

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय १४ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्गुरूसाईनाथाय नमः ॥ जय साईनाथा संतवरा । जय जय दयाळा गुणगंभिरा । जय निर्विकारा परात्परा । जय जय अपारा अमर्यादा ॥१॥ दवरून अलक्ष्यीं नजर । उपाट दया भक्तां खातीर । घेवन अनेक अवतार । संकश्टांतल्यान तारता तांकां ॥२॥ करपाक दिनांचो उद्धार । होय एक लिलावतार । भक्तदुर्वासना दुर्धर । दुश्ट दुर्जनांक मारपाक ॥३॥ सद्भावान दर्शनाक जे जे आयले । ते ते [1]स्वानंदरस पियेले । अंतरांत आनंदनिर्भर जाले । धोलपाक लागले प्रेमसुखान ॥४॥ अशा गुणांचो साईसमर्थ । हीन दीन हांव [2]अतिविनीत । तांच्या चरणांचेर माथें दवरीत । करतां नमस्कार साश्टांग ॥५॥ आतां फाटले कथे वयल्यान । धंयभात खातकूच काळ्या सुण्यान । जालें मलेरियाचें निरसन । जाली कथा सांगून ॥६॥ मोडशी आनी महामारी भिरांकूळ । पेज पिवोवन, बोटांनी आदेशून । तशेंच भाजिल्लीं भिकणां खावपाक दिवन । घालयल्यो समेस्त पिडांक ॥७॥ तसोच एकाचो पोटशूळ । एकल्याचो कानाचो रोग समूळ । दुसऱ्याचो टिबी भिरांकूळ । घालयलो फकत दर्शनानूच ॥८॥ कशे श्रीसाई कृपेक लागून । भीमाजी जाले सूखसंपन्न । साईं कडेन कृतज्ञताय पूर्ण । चरणीं शरण अखंड ॥९॥ तसोच अभिनव होय प्रकार । होय आगळो चमत्कार । श्रोते आयकतले दवरून आदर । विस्वासून आरंभ करतां सांगपाक ॥१०॥ श्रोत्यांचें नासत जाल्यार भान ।

---

१. आत्मानंद. २. नम्र.

कशें येतलें सांगप्याक स्फुरण । कशें गुणाक पडटलें कथन । कशें रसपूर्ण जातलें तें ॥११॥ सांगपी कसो कथन करीत । तो पुरायेन श्रोत्यांच्या ताब्यांत । आयकुप्यांचोच आधार घेत । करता तो रसवर्धन तातूंतल्यान ॥१२॥ आदींच हें संतचरित्र । पुरायेन गोड भितर भायर । गोड संतांचे आहार विहार । उतरांय तांचीं गोड गोड ॥१३॥ चरित्र न्हय हें स्वानंदजिवन । साईमहाराज दयाघन । प्रेमान भक्तांच्या तातूंतल्यान । दाखयलो मार्ग आपल्या स्मरणाचो ॥१४॥ गजाली प्रवृत्तीच्यो सांगताले । मार्गाक निवृत्तीच्या लायताले । उपदेश परमार्थाचो दिताले । अश्यो कथा ह्यो सत्पुरसांच्यो ॥१५॥ मनांत तरी हेंच आसचें । कीं संवसारांत सुखान वागचें । तरीय सदांच सादूर आसचें । सार्थक करचें जिणेचें ॥१६॥ भाग्य जेन्ना फळाक येता । अनपेक्षीत जिवाक नरदेह मेळटा । तातुंतूय जाका परमार्थ कळटा । तो परम पुण्यवान ॥१७॥ ताचेंय जो करिना सार्थक । जल्मलो भुंयेक भार निरर्थक । जनावरा परस चड आनीक । जगपाचें सूख ना ताका ॥१८॥ खावप जेवप घेवप शरीरसूख । हाचे परस नकळो जो कांयच आनीक । जनावरा परस पाश्ट तो मनीस । शेंपडी शिंगां नाशिल्लो ॥१९॥ कितली ह्या नरदेहाची महती । हातुंतूच मेळटली भगवद्भक्ती । पांयां कडेन येतल्यो चारूय मुक्ती । आपल्या आत्म्याची प्राप्ती हातुंतूच ॥२०॥ कुपां सांगातान जोगला भशेन । संवसार हो चंचल तेच तरेन । लोकांक ग्रासपी काळरुपी सोरपा प्रमाण । खीण सुखाचो दुर्मीळ ॥२१॥ आवय, बापूय चुलतो [1]भ्रात । भयण बायल धूव पूत । लांकडां व्हांवत येवन न्हंयेंत । जातात एकठांय तशें हें ॥२२॥ दिसलो खीणभर तांचो जरी एकवट । ल्हारा सरशीं फाटाफूट । घडटा तांची जी ताटातूट । मेळनात परत तीं केन्नाच ॥२३॥ सादलेंना आत्महीत लोकांत । घालयली ताणें आवयक फुकट । लागले बगर संतांच्या

---

१. भाव.

चरणांत । जातली हानी जल्माची ॥२४॥ प्राणी जेन्ना जल्माक आयलो । तेन्नाच मरणाचे वाटेक लागलो । मागीर आयज फाल्यां काय परवां वतलो । विस्वासलो तो फसलो मनीस ॥२५॥ दवरचें ह्या मरणाचें स्मरण । देह फकत काळाचें पांगरूण । अशें ह्या प्रपंचाचें लक्षण । सादूर सदांच आसचें ॥२६॥ सादूर पावल दवरतकूच वेव्हारांत । कश्टां विणें पावतलो परमार्थांत । म्हणुनूच नासचो आळस प्रपंचांत । नासची निर्शेवणी पुरुशार्थांत ॥२७॥ प्रेमान आयकतात साईकथा । तांकां कल्याण प्राप्ती जाता । साईचरणांचेर भक्ती दवरतां । मेळटली सूखसमृद्धी खात्रेन ॥२८॥ जांकां साईंचें प्रेम पूर्ण । तांकां हें कथांचें सांठवण । जातली पावला पावलार आठवण । साईचरण कमलांची ॥२९॥ ब्रह्माचें उतरांतल्यान कथन । [1]अतींद्रियाचें इंद्रियांनी सेवन । कितलेंय करात हें कथा अमृतपान । पूर्ण समाधान कुस्तार ॥३०॥ अगाध हें संतांचें [2]विंदान । अवर्णनीय तांचें महिमान । तोंडांतल्यान ताचें पूर्ण कथन । करपाक तांक कोणाक ॥३१॥ नित्य पडटकूच ह्यो कथा कानांत । दिसतले साई नित्य दोळ्यांत । दीसरात ध्यानांत मनांत । यादींत चिंतनांत कायम ॥३२॥ दिसतले उठ्ठां बसतना । जागेपणीं न्हिदांत खातना-जेवतना । सांगातूय दितले चलतां भोंवतना । गर्देंत एकोडेपणीं निरंतर ॥३३॥ अशे तरेन मेळटकूच एकाग्रता । मनाक मेळटली स्थिती विरक्तता । अशें जावपाक लागतकूच सदांकदां । चित्त जातलें तल्लीन चैतन्यांत ॥३४॥ आतां फुडले कथेचो सांगात । आयल्या जी फाटल्या अध्यायाच्या शेवटांत । तिचेंच धरून सध्या सुत्र । आयकात आदरान श्रोत्यांनो ॥३५॥ भावभक्तीची शिरोपुरी । कितलीय खा सदांच अपुरी । गळ्या मेरेन खाली तरी । जायना धादोशी केन्नाच ॥३६॥ आसूं, श्रोत्यांनो ही दुसरी कथा । तुमी आयकल्यार आदरान आतां । संतदर्शनाची सार्थकता ।

१. इंद्रियांक कळपाक कुस्तार असो. २. चातुर्य.

जातली दृढता मनाची ॥३७॥ बाबा बाह्यता करिनासले कांयच । स्थान सोडून वचनासले खंयच । जाणटाले सगले बसल्यात थंयच । दिताले अणभव सगल्यांक ॥३८॥ जें सत्तत्वूय निजपिंडीं । तेंच आसा अखील ब्रह्मांडीं । कुडीची करून उंवाळणी । पळयात अखंडीत ॥३९॥ त्या सत्तत्वाक जो शरण । सगल्यां विशीं ताका एकत्व जाण । अनेकत्वाचें केल्यार धारण । जल्ममरण-परंपरा ॥४०॥ अनेकत्व स्थापन करपी बुद्धी । अज्ञानूच समजुचें [१]त्रिशुद्धी । गुर्वागमें चित्तशुद्धी । स्वरूपस्थिती तातूंतल्यान ॥४१॥ अज्ञानपण घालोवन निवृत्ती । तीच एकत्वाची प्राप्ती । मातसो पसून आसल्यार भेद चित्तीं । अनन्य स्थिती ती कसली ॥४२॥ ब्रह्मादी-[२]स्थावरान्त । जें जें उपाधीयुक्त । अविवेक्यांक अब्रह्मवत् । चारूय वटयां ब्रह्म तें ॥४३॥ तें सकल विज्ञानघन सभाव । संवसारधर्माक जंय [३]अभाव । नामरुपांचो पुसलो थाव । ब्रह्म तें [४]गात्रां बगर ॥४४॥ उपाधी सभाव भेदे । अज्ञान मोह आदीं [५]प्रमादें । अनेकत्वांत हें चित्त [६]लोधे । एकत्वबोधे जाता स्वस्थ ॥४५॥ हांव वेगळो लोक वेगळे । अशें ना जाका कांयच निराळें । अखंडएकरसपूर्ण जें भरलें । दुसरें ना उरूंक तांकां ॥४६॥ नामरूप कार्य करप । ह्यो सगल्यो उपाधी समजप । अनेकत्व पुरायेन त्यागप । ब्रह्म जावप तें हेंच ॥४७॥ हांवूच एक सगलो पळयात । म्हजे बगर ना रिती सुवात । व्यापून उरलां धाय दिशांत । कांयच ना आनीक म्हजे बगर ॥४८॥ हीच भावना दृढ धरची । माया भ्रम पयस सारची । म्हजे बगर ना आनीक वस्त खंयची । आवरची नदर आपली ॥४९॥ श्रोत्यांक सहज येतलो दुबाव । कसलो तरी हो भेदभाव । जीव [७]ज्ञाता, ब्रह्म [८]ज्ञेय । उपाय कसलो हो निरुपयोगी ॥५०॥ भेदबुद्धी [९]रती भशेन ।

---

१. कूड, उतर आनी मन हांची शुद्धताय. २. हालोवंक मेळना अशें. ३. मात्तूय नासप. ४. कुडीचे अवयव. ५. गुन्यांव. ६. सुवार्थी.
७. जाणणारो. ८. जाणपाक योग्य. ९. आसक्ती.

अनन्यत्वाक करता लुकसाण । तत्काळ निर्मिता नानापण । जल्म-मरणा खातीर ॥५१॥ अज्ञान काळखी दृश्टी । सोंपतकूच सोंपता सकल सृश्टी । सस्वरूप एक भरतली [१]दृश्टी । पळटलें अनेकत्व रोखड्यारोखडें ॥५२॥ शुद्ध उदकांत शुद्ध उदक । घालतकूच जाता सगलें एक । मेळना ताची वळख । सोंपता भेद एकरुपांत ॥५३॥ लांकडांचे आकार जरी भिन्न । उज्या कडेन तीं एकरूप लीन । तो तर अभंग आकारहीन । स्वता विलीन निजरुपांत ॥५४॥ अशेंच आत्मऐक्य विज्ञान । लागना आनीक [२]प्रतिपादन । आत्मो सगल्या आदितत्वांनी परिपूर्ण । रुपा विरयत सर्वथा ॥५५॥ विपरीत फट आरोप निमित्त । तातूंतल्यान भ्रमीत सदांच चित्त । जल्म मरणा आदीं दुख्खां अणभवीत । प्राणी दुबावीत सदांकाळ ॥५६॥ सोडून नामरुपा असलीं विशेशणां । निर्मळ विज्ञानरूप साध्य करता । अशा सिद्धाक माया ना बादता । निजानंदांत तो मग्न सदांच ॥५७॥ देख अशे स्थितीची । मुर्तीमंत पावलां साईंचीं । संद मेळ्ळी जाका दर्शनाची । धन्य धन्य लोक अशे ॥५८॥ चंद्र जरी दिसता उदकांत । पूण तो जसो उदकातीत । संत तशेच भक्तपरिवेश्टीत । प्रत्यक्षांत अलिप्त तांकां ॥५९॥ दिसलो जरी परिवारिलो भक्तीं । तरीय खंयच ना आसक्ती । स्वस्वरुपांत चित्तवृत्ती । दृश्यनिवृत्ती सर्वदा ॥६०॥ अशे हे महा साधुसंत । जांच्या तोंडांतल्यान उलयता भगवंत । कितेंच ना अशक्य तांकां विश्वांत । ते नकळो अशे ना कांयच ॥६१॥ उपदेश दितात आनी घेतात । अशे गुरू-शिश्य असंख्य संवसारांत । मात उपदेशा वांगडा अनुभुती दाखयतात । अशे गुरू दुर्मीळ ॥६२॥ पुरो आतां हें पूर्ववर्णन । करुया मुख्य कथा अवतरण । ते खातीर श्रोते उत्सूकतायेन । आयकून संपन्न जावचे ॥६३॥ मोगलाई नांदेड शारांतले । पारशी वेपारी एक नामनेचे । भोव धार्मीक म्हूण लोकप्रीय आसले । नांव [३]रतनजी तांचें ॥६४॥

१. नदरेक. २. सिद्ध करपा खातीर पुरावो. ३. रतनजी शापुरजी वाडिया, कंत्राटदार, नांदेड.

पसारे गिरेस्तकायेचे । गाडयो घोडे शेतां जमनींचे । सदांच उकतें दार वाडियांचें । निरशेवन केन्ना कोण गेलोना ।।६५।। अशे तरेन खोसयेच्या दर्यांत । बुडिल्ले आसतना दीसरात । भितरल्यान मात खर चिंतेस्त । आसताले सदांच रतनजी ।।६६।। हें ईश्वरी सुत्रूच पळयात । सर्वसुखी कोणूच ना संवसारांत । दरेकल्याक कसलें तरी आसताच । दुख्ख एक ना एक ।।६७।। कोणूय स्वताक समजता आसतलो । ऐश्वर्य सुखान आपुणूच व्हडलों । उरफाटोय चलपाक लागतलो । पूण अभिमान हो फुकटचो ।।६८।। व्यंग नाशिल्ल्याक लागतली दिश्ट । सुक्षीम व्यंगत्वाची तीट । परमेश्ठी स्वताच्या हातांनी लायता येतिश्ट । अशें हें स्पश्ट दिसता ।।६९।। रतनजी धनधान्यान संपन्न । आयिल्ल्यां गेल्ल्यांक घालताले अन्न । गरिबांचें पयस करताले दैन्य । खुशालभरीत सदांच ।।७०।। अशे शेटजी सुखांत आसले । पळयतल्याकूय तशेंच दिसतालें । पूण धनाचें सूख पूर्ण नासलें । पूत नाशिल्ल्यान पदराक ।।७१।। पुता खातीर यत्न केले । तातूंतल्यान बारा धुवांचे बापूय जाले । तरीय मन धादोशी नासलें । पुता बगर तांचें कशेंच ।।७२।। प्रेमा बगर हरिकिर्तन । तालस्वर नासतना गायन । जानव्या बगर ब्राह्मण । सोबाय ताची कोणाक ।।७३।। आसा सगल्या कलांनी प्रवीण । तरीय ना सारासार ज्ञान । भूतदयाहीन आचार संपन्न । सोबाय ताची कोणाक ।।७४।। कपलार तिबो गोपिचंदन । गळ्यांत तुळशीमाळांचें भुशण । जीब करता संतविडंबण । सोबाय ताची कोणाक ।।७५।। पश्चतापा बगर तिर्थाटन । गळसरे बगर अलंकरण । पुत्रा बगर गृहस्थ सदन । सोबाय ताची कोणाक ।।७६।। पुताच्या रुपान एक तरी संतान । दितलो काय हो नारायण । हेंच तांचें सदांचें चिंतन । नासलो थारो मनाक ।।७७।। तातूंतल्यान शेटजी सदांच खिन्न । गोड लागनासलें कशेंच अन्न । दीसरात खंती मनान । चिंतामग्न सामके ।।७८।। देवा म्हजो इतलो कलंक । धुवन कर म्हाका निश्कलंक । दी वंशाक आदार एक । सांबाळ लज म्हजी

प्रभुराया ।।७९।। दासगणूंक भोव मानीत । तळमळे मनाचे तांकां सांगीत । तांणी म्हणलें शिरडीक वचात । इत्सा पूर्ण जातली तुमची ।।८०।। घेयात बाबांचें दर्शन । वंदून तांचे चरण । करात मनांतलें निवेदन । दितले आशिर्वाद तुमकां ते ।।८१।। चलात तुमचें जातलें कल्याण । अगाध संतांचें महिमान । वचात तांकां भक्तीन शरण । जातलें कल्याण जिणेचें ।।८२।। मनाक भावलो विचार । रतनजींनी केलो निर्धार । कांय दीस वतकर । पावले शिरडीक बाबां कडेन ।।८३।। गेले दर्शनाक मशिदींत । चरणांचेर लोटांगण घालीत । प्रेम दाटलें मनांत । पळोवन पुण्यराशी म्हाराजांक ।।८४।। उगडून फुलांचो पांटलो । हार तातूंतल्यान काडलो । प्रेमान साईंक ओंपलो । फळांय ओंपलीं चरणांचेर ।।८५।। जावन भोव लीन । तितल्याच आदरान रतनजीन । बसून लागीं बाबां कडेन । केली प्रार्थना ती आयकात ।।८६।। लोक महासंकश्टांत धांवून । येतात तुमच्या पांयां कडेन । बाबा तुमी तत्काळ राखण । करतात अशें आयकलां हांवें ।।८७।। म्हणुनूच आयलां धांवत । बाळगून व्हड आस मनांत । घेयात म्हाका पदरांत । धाडूं नाकात म्हाराजा निरशेवन ।।८८।। मागीर बाबांनी म्हणलें ताका । बरी बेगीन याद जाली तुका । दी कितें हाडल्या ती दक्षणा म्हाका । मागीर तूं जातलो कृतार्थ ।।८९।। येतकूच कोणूय दर्शनाक । लागतकूच वंदूंक चरणांक । हिंदू मुसलमान पारशी सगल्यांक । बाबा दियात म्हणीत दक्षणा ।।९०।। दक्षणाय म्हण नासताली सादीसुदी । रुपया एक दोन वा पांचकडी । मागताले हजार लाख कोडी । स्वेत्सा आवडीची दक्षणा ।।९१।। दिली तरीय आनीक हाडात । सोंपली म्हणल्यार म्हणीत उश्णी घेयात । जेन्ना खंयच उश्णीय ना मेळत । तेन्ना थांबयत मागपाचें ।।९२।। आनीक त्या भक्तांक म्हणीत । ‘‘दुबाव धरूं नाकात मनांत । दितां हां तुका पयशे मस्त । बस तूं हुसक्यामेकळो म्हजे कडेन ।।९३।। दुनिया मे किसी का कोई है । और किसी का कोई है । अपना तो यहां कोई नहीं है । अपना अल्ला

ही अल्ला है ।।९४।। करतलो जो म्हाका जीव प्राण । अशांचीच म्हाका वाण । ताणें दितकूच म्हाका एक गूण । दितां शतगूण ताका हांव'' ।।९५।। आसलो जरी व्हडलो लाखांधीश । ताकाय दक्षणा मागपाक । गरिबाच्या दारांत वचपाक । आज्ञा करीत म्हाराज ।।९६।। व्हडलो गिरेस्त वा गरीब । गरीब दुर्बळ वा कफल्लक । एक उणो वा एक अदीक । नासलें खबर साईंक ।।९७।। वंदून आज्ञा नमळायेन । सोडून मनांतलो अभिमान । बाबां खातीर हाडीत मागून । दक्षणा घरांतल्यान गरिबांच्या ।।९८।। सारांश हाचे फाटलो होच एक । दक्षणेचें फकत करून निमीत । बाबा शिकयत आपल्या भक्तांक । आपणावपाक नमळाय ।।९९।। येवये दुबाव कोणाच्याय मनांत । साधवांक धनाची कसली गरज । खोलायेन जर विचार करीत । जाल्यार पयसावतलो दुबाव ।।१००।। साई जरी [1]पूर्णकाम । दक्षणेचें थंय कितें काम । कसो आसत तो [2]निश्काम । मागता जो पयशे भक्तां कडेन ।।१०१।। जाका करे आनी हिऱ्याचें । नाणें तांब्याचें वा भांगराचें । मोल सारकेंच सगल्यांचें । तो कित्याक हात पातळटलो ।।१०२।। पोट भरपाक मागता भिक्षा । वैराग्याची आपणायली दिक्षा । त्या विरक्त आनी निरपेक्षा । आस कसली दक्षणेची ।।१०३।। आठ सिद्धी जोडून हात । तिश्ठता जाच्या दारांत । [3]नवनिधी जाचे आज्ञेंत । तो कसो जायत लाचार द्रव्या खातीर ।।१०४।। ऐहिकाचेर मारून खोंट । आमुष्मिकाक जे किकोंत करीत । अशे जे तटस्थ विरक्त । तांकां धन जाय कित्याक ।।१०५।। जे संत साधू सज्जन । जे उत्तमश्लोकपरायण । भक्त कल्याणा खातीर जांची जीण । तांकां धन जाय कित्याक ।।१०६।। साधवांक दक्षणेची कसली गरज । तांचें मन आसचें इत्शे विरयत । फकीर आसुनूय मनाचे हावरट । पुजा प्रार्थना पयशांची ।।१०७।। पयल्या दर्शनाक घेता दक्षणा । दुसऱ्या दर्शनाक मागता दक्षणा । निरोप

१. जाची इत्सा पूर्ण जाल्या असो. २. फलइत्सा नाशिल्लो. ३. कुबेराचीं णव भांडारां.

मागल्यारूय हाडात दक्षणा । खिणाखिणाक कितें हें ।।१०८।। पयलीं पानीय उत्तरापोशन । मागीर हात मूख–प्रक्षालन । उपरांत करप विडो दान । ताचे उपरांत दक्षणा ।।१०९।। पूण बाबांचो क्रम विलक्षण । लावपाक गेल्यारूच उटी चंदन । नाजाल्यार अक्षता अलंकरण । मागताले तेन्नाच दक्षणा ।।११०।। सुरवात करतनाच पूर्व आराधना । बाबा पयलींच मागताले दक्षणा । ॐ तत्सद्ब्रह्मार्पणा । त्या खिणाकूच करपाक येत ।।१११।। तरी ह्या दुबावाचें निरसन । करपाक लागनात महायत्न । खीणभर दितकूच ध्यान । समाधान मेळटलें ।।११२।। धन सांठोवपा फाटल्यान । धर्म घडचो होच हेत मनान । पूण किरकोळ काम आनी विशयांतल्यान । करून साध्य घेताले ते ।।११३।। धनाक लागून धर्म घडटा । धर्माक लागून ज्ञान मेळटा । सुवार्थ आसुनूय तो परमार्थ जाता । मेळटा समाधान मनाक ।।११४।। सुरवातीक बरोच तेप असलें । बाबा कांयच घेनासले । जळिल्ल्यो काडयो जमयताले । भरताले बोल्सांत आपल्या ।।११५।। आसूं भक्त वा [१]अभक्त । नासले कोणा कडेन कांयच मागीत । तरीय कोणूय पयसो आणो दीत । हाडीत ताचें तेल चुरो ।।११६।। चुन्याचें भोव प्रेम । ओडटाले विडी वा चिलीम । ते चिलमीची सेवाय [२]निस्सीम । नासताली चडशी धुंवरा बगर ।।११७।। फुडें कोणाच्या आयलें मनांत । दक्षणे बगर रिते हात । संतदर्शनाक कशें वचप । म्हणुनूच दक्षणा घेताले ते ।।११८।। पयसो दिल्यार घालीत बोल्सांत । कोणूय केन्ना जर चड दीत । जाल्यार सगले दिताले परत । क्रम हो असो बरोच तेंप ।।११९।। मात फुडें कांय तेंपान । कीर्त वाडली दिसादिसान । भक्त येवंक लागले पयस पयसुल्यान । पुजा जावंक लागली विधीपूर्वक ।।१२०।। पुजा जायना संपूर्ण । भांगर फुलां दक्षणे वीण । हें तर नित्य पुजेचें आचरण । पुजप्या प्रमाण चलतालें ।।१२१।। करतना राज्याभिशेक । वा

---

१. मनांत भक्ती नाशिल्लो. २. अमर्याद.

वतना पाद्यपुजेक । हाडटाले भेट पुजेक । तशीच दक्षणा गुरूपुजेक ।।१२२।। ''उच्चस्थान स्थीत दक्षणावंत । भांगर दान दिवपी ज्ञानवंत । हेमदान दिवपी चित्तशुद्धवंत'' । वेदभागांत वचन हें ।।१२३।। शुभमंगल गंध दानान । आयुश्य वाडटा अक्षतेन । श्री ऐश्वर्य फूल विडो ओंपिल्ल्यान । तशी दक्षणेन बहुधनताय ।।१२४।। गंध अक्षता विडो फूल । पुजा सामानांत जशें [1]मूळ । तशीच दक्षणा सुवर्णफूल । बहुधन फळ दिवपी आसता ।।१२५।। दक्षणा लागता देवता पुजेक । तशीच तिचे सांगता सिद्धी खातीर लोकांक । एकवत उद्यापनाच्या वायण दानाक । ओंपपाक लागता भांगर ।।१२६।। जगाची ही घडामोड । पयशांचेरूच सगली [2]मोड । अब्रूलुकसाणीचीय फेड । फेडटात ती पयशांनी ।।१२७।। ''हिरण्यगर्भ-गर्भस्थ'' । हे सारके मंत्र उच्चारीत । देवपुजेक पसून दक्षणा [3]संमत । मागीर संतपुजेकूच नाका कित्याक ।।१२८।। घेवंक वतात तेन्ना संतदर्शन । आपआपल्या ज्ञाना प्रमाण । येवजिता कोण कितें मनांतल्यान । एकमत आसप कुस्तार ।।१२९।। कांय जाण भजन भावार्थान । कांय जाण संतपरिक्षेक लागून । कोण म्हणटा मनांतलें सांगून । दितलो लोकांक तो संत ।।१३०।। कोण दिर्घायुश्य मागता । हती भांगर संपत्ती [4]मत्ता । कोण भुरगीं नातरां सत्ता । मागतात सूखसमृद्धी अखंड ।।१३१।। अजाप बाबांची अगाध शैली । मारलीं जरी कोणेंय फकांडां टवाळी । दुर्बुद्दीची तांचे जावन होळी । जातात नतमस्तक चरणांचेर ।।१३२।। हेंय भाग्य नासल्यार नशिबांत । पश्चाताप तरी करताले मनांत । जावन गर्वरहीत निश्चीत । घेताले अणभव खात्रेन ।।१३३।। हे तर सगले अडाणी भक्त । सदांकाळ प्रपंचांत [5]आसक्त । दक्षणा दानान शुद्धचित्त । जावचे हीच इत्सा बाबांची ।।१३४।। ''यज्ञेन दानेन तपसा'' ही [6]श्रुती । आत्मज्ञान इत्सुका प्रती । दक्षणा दिवप साधन युक्ती । वचन उक्ती सांगता

१. गरजेचे. २. भार. ३. मान्य. ४. धन. ५. तल्लीन. ६. वेदवाक्य.

स्पश्ट ॥१३५॥ भक्त सुवार्थी वा परमार्थी । दोगांकूय जावची इत्सीत प्राप्ती । तरीय दक्षणा आपल्या [1]गुरूप्रती । स्वहिता खातीर दिवचीच ॥१३६॥ प्रजापतीनूय देवांक दैत्यांक । मनशा सयत तीग अपत्यांक । ब्रह्मचर्यपण सोंपतकूच । उपदेश मागतना म्हणलां हेंच ॥१३७॥ 'द' हो एक अक्षरी उपदेश केलो । कितें तातूंतल्यान बोध जालो । तोय विचारून ठाम केलो । आगळी लिला गुरूशिश्याची ॥१३८॥ ''दान्त व्हावें'' देव समजले । ''दया करा'' राक्षस समजले । ''दान दिवचें'' मनीस समजले । म्हणलें प्रजापतीन ''भलें भलें'' ॥१३९॥ देव न्हय हेर कोण । मनिसूच तरीय सभावान भिन्न । अदान्त उत्तम गुणसंपन्न । देव हें नांव तांचें ॥१४०॥ मनशां भितरूच आसात राक्षस । जे क्रूर दुश्ट जनावरां परस । मनशाक छळटा हावरटपणाची आस । अशे तीन [2]प्रकार मनशाचे ॥१४१॥ तरी अशा हावरट मनशाक । तातूंतल्यान भायर काडपाक । भक्त हिताचे इत्शेन धरता हात । कृपासागर श्रीसाईनाथ ॥१४२॥ तैत्तिरीय उपनिषदनुवाक । एकादशीं श्रुतिंतूय पळयात । जायते दान प्रकार सांगल्यात । तांचे मदलो दरेक आयकुचो ॥१४३॥ दान सदांच श्रद्धेन दिवचें । श्रद्धे बगर दिल्लें ना पावचें । राज आज्ञेन शास्त्राज्ञेक भियेवचें । लजेन दिवचें कितेंय तरी ॥१४४॥ लग्ना असले लोकाचार । थंयूय दिवचो पडटा अहेर । राखचो पडटा शिश्टाचार । लोकवेव्हार–ख्यास्त ही ॥१४५॥ बाबांचीय दकार भक्तां पासत । भक्तां खातीर तेंच मागीत । करात दया दान जायात दान्त । मेळटलें सूख अपार ॥१४६॥ अदान्त तत्व अशे तीन दोश । करपाक तांचो नाश । हो एकाक्षरी सुपुल्लो उपाय खास । आंखतात गुरूराय शिश्यां खातीर ॥१४७॥ काम लोभ आनी मत्सर । अशूभ आत्मोन्नती खातीर । तांचो जय सामको कुस्तार । ते खातीर सोंपो उपाय हो ॥१४८॥ जशी ही [3]श्रुती तशीच स्मृती । तिचीय

---

१. गुरूक. २. बृहदारण्यक, अ. 5, द्वितीय ब्राह्मण. ३. बृहदारण्यक उपनिषद्भाष्य पांचवो अध्याय, द्वितीय ब्राह्मण (श्रीमच्छंकराचार्य).

अशीच अनुमती । तिचें अवतरण श्रोत्यांप्रती । दितां ठाम प्रतीअर्था पासत ॥१४९॥

त्रिविधं नरकस्येदं द्वारं नाशनमात्मनः । कामः क्रोधस्तथा लोभस्तस्मादेतत्त्रयं त्यजेत् ॥

– श्रीमद्भगवद्गीता, अ. १६, श्लो. २१

काम क्रोध लोभ जाण । हीं नरकाचींच दारां तीन । तांकां लागून आत्मविनाशन । ते खातीर स्पश्टपणान त्यागचीं ॥१५०॥ परम दयाळू साई समर्थ । सादपा खातीर भक्तांचें हीत । दक्षणा तांचे कडेन मागीत । दिताले शिक्षणूय त्यागाचें ॥१५१॥ दक्षणेचें मोल कितलें म्हणून । साध्य करपाक गुरूवचन । अनमनना जो दिवपाक पसून प्राण । ताचो परमार्थ कित्या खातीर ॥१५२॥ खरेंच भक्त कल्याणा वीण । बाबांक कितें दक्षणेचें कारण । स्वता तांची नासली जीण । आदारून दक्षणेचेर ॥१५३॥ पोटा खातीर भिक्षा मागीत । दक्षणे विशीं नासलो सुवार्थ । दक्षणा दानान शुद्धचित्त । जावचे निजभक्त हेत होच ॥१५४॥ वयर सांगिल्लें वेदवचन । ताचे प्रमाण दक्षणा प्रदान । आदीं हाडले बगर घडोवन । घडना भजन संपूर्ण ॥१५५॥ पुरो आतां हो दक्षणा–ग्रंथ । विस्कटावन जालो ताचो अर्थ । ना आस्त ना सुवार्थ । भक्त हिता खातीर दक्षणा ॥१५६॥ म्हणून आतां कथाभाग । व्हरुया मुखार [१]यथासांग । आयकात रतनजींचो दक्षणा प्रसंग । कवतूक दिसतलें साईंचें ॥१५७॥ श्रोत्यांनो पूर्ण कृपापूर्वक । आयकात हें अद्भूत कथानक । साईस्वरूप कितलें व्यापक । पळयात अलोलीक कितलें तें ॥१५८॥ शेटी कडेन दक्षणा मागतां । बाबा सांगताले आदली कथा । पूण ती स्मरलिना तांच्या चित्ता । दिसलें अजाप शेटींक ॥१५९॥ तीन रुपया चवदा आणे । जाणां हांव जे दिल्ले तुवें । म्हजे खातीर हाडल्यात जे बाकीचे । दी ते दक्षणेचे आतां म्हाका ॥१६०॥ हेंच

१. पुरायेन

बाबांचें पयलें दर्शन । तरीय आयकून तांचें वचन । रतनजी अजापीत पुरायेन । करपाक लागले उगडास ॥१६१॥ शिरडीक आदीं आयलोंना । कोणा कडेन कांयच धाडलेंय ना । अजाप हें अशें आसतना । बाबांच्या त्या उतरांचें ॥१६२॥ आदीं केन्नाच ना अशें घडलें । रतनजी मनांत पुराय गोंदळ्ळे । दक्षणा दिवन पांयां पडले । तरीय सुटलेंना कुवाडें तांकां ॥१६३॥ तें तितल्याचेरूच सोंपलें । प्रयोजन येवपाचें सांगलें । परत एकदां लोटांगण घालें । जोडून बसले आपले हात ॥१६४॥ शेटजी भोव धादोसले । म्हणलें, बाबा बरें केलें । आदलें भाग्य फळाक आयलें । मेळ्ळें दर्शन चरणांचें ॥१६५॥ हांव दुर्दैवी [1]अल्पज्ञ । खबर ना पुजा अर्चा यज्ञ । नशिबानूच हें त्रिकालज्ञ । दर्शन घडलें चरणांचें ॥१६६॥ तुमी जाणटात म्हजी चिंता । करात ती पयस कृपावंता । पयस करूं नाकात ह्या अनन्य भक्ता । पडटां पांयां दयाळा ॥१६७॥ दया आयली साईनाथा । म्हणलें हुसको करूं नाका । तुजें दुर्दैव हांगाच्यान आतां । जातलें नपश्चात सदां खातीर ॥१६८॥ उदी प्रसाद दिलो हातांत । माथ्यार दवरलो कृपेचो हात । शेटीक दिलो आशिर्वाद । ''मनाची मुराद पुरवील अल्ला'' ॥१६९॥ मागीर आज्ञा आशिर्वाद घेवन । शेटजी नांदेडाक आयले परतून । सविस्तर सांगलें गणुदासाक वचून । जें जें जशें घडलें तें ॥१७०॥ मना सारकें जालें दर्शन । खुशालभरीत जालें मन । प्रसादपुर्वक आस्वासन । धन्य धन्य जालों हांव ॥१७१॥ मना सारकें जालें सगलें । पूण एकूच ना म्हाका कळ्ळें । म्हाराज हें कितें उलयले । उलगडो जालोना कसलोच ॥१७२॥ ''तीन रुपया चवदा आणे । जाणां हांव जे दिल्ले तुवें'' । बाबांचें हें कितें उलोवणें । सांग समजावन सगलें म्हाका ॥१७३॥ खंयचे रुपया खंयचे आणे । खंय केन्ना घडलें देणें । हेंच पडलां म्हाका कुवाडें । म्हजी ही पयलीच भेट शिरडीची ॥१७४॥ म्हाका कांयच कळनाशें

१. गिन्यान नाशिल्लो.

जालां । गूड कुवाड्यांत हांव पडलां । मनाचो सगलोच गोंदळ जाला । तुमी तरी सोडोवन सांगात ॥१७५॥ हो एक चमत्कार । गणूदास करूंक लागले विचार । कितें आसतलें हातूंतलें सार । जायना निर्धार मनाचो ॥१७६॥ विचार करतना अखेरेक । अवलियाची मूर्त एक । मौलीसाहेब अशी जांची वळख । याद बुवांक जाली तांची ॥१७७॥ जातीचे हे मुसलमान । वागणें पूर्ण संतां भशेन । धंदो हमालीचो करून । नशिबाचे आज्ञेन वागताले ॥१७८॥ दिल्यार हांचें चरित्र सविस्तर । जातलें ग्रंथाचें विशयांतर । मौलीसाहेब-कथाचरित्र । नांदेडांत खबर सगल्यांक ॥१७९॥ शिरडीक वचपाचें थारतकूच । मौलीसाहेबांची फेरी सहजूच । एक दीस आपसुकूच । पावली घरांत शेटजींच्या ॥१८०॥ त्या दोगांकूय एकामेकांचेर । प्रेम आसलें भरपूर । फळपान-फुलांचे हार । योग्य आदरान ओंपले ॥१८१॥ जावन इत्सा शेटजींक । खाना दिलो मौलींक । थंयच्या खर्चाचो उगडास । जालो गणुदासांक तेन्ना ॥१८२॥ खर्चाची वळेरी मागयली । पै पै सगली धरली । मागीर एकठांय करून मेजली । बेरीज जाली ज्युस्त ॥१८३॥ तीन रुपया चवदाच आणे । तितल्याक तितले चड ना उणे । हिशोब तांचो आसलो बाबां कडेन । अजाप केदें व्हड हें ॥१८४॥ बसल्यात थंयच मशिदींत । ज्ञानराशी सगलें जाणटात । भूत भविश्य वर्तमान वळखतात । घडलें जरी तें खंयच्याय देशांत ॥१८५॥ भूतमात्रा विशीं एकरुपता । आसले बगर साईसमर्था । येत व्हय हो प्रकार अणभवा । वा सांगपाक हेरांक ॥१८६॥ शिरडीच्यान पयस नांदेड । दोगांय मदीं अंतर व्हड । अनवळखी एकामेकांक हे संत । साईंक तार ही येवची कशी ॥१८७॥ साईम्हाराज तो हांव एक । मौलीबुवा कोण आनीक । भेदबुद्धीचो हो विवेक । नासलें वेगळेपण दोगांय मदीं ॥१८८॥ मौलीबुवांचो जो आत्मो । तोच सगल्यांचो समान आत्मो । पूण ह्या एकरुपतेच्या धर्माचो । धन्य तें वर्म जाणणारो तो ॥१८९॥ बाह्य देहान जरी वेगळे आसले । अंतरांत दोगूय एकूच

आसले । ''ते दोग'' म्हणप योग्य नासलें । केन्नाच वेगळे नासले ते ॥१९०॥ त्या दोगांचें एक ज्ञान । एक प्राण एक धोरण । दोगूय एकूच चैतन्यघन । समसमान वृत्तीन ॥१९१॥ शिरडी–नांदेड अंतर व्हड । त्या दोगांचें मन अखंड । एक प्राण एक कूड । तातूंतल्यान पावली तार दोगांकूय ॥१९२॥ कितले अजापीत हे साधुसंत । उलयतात नासतनाय तार यंत्र । खंयूय कितेंय घडूंदी सृश्टींत । माहिती पुरायेन आसता तांकां ॥१९३॥ मुखार योग्य काळ गेलो । रतनजींक देव पावलो । गुरवारपणाचो संकेत मेळ्ळो । खुशालकाय पातळ्ळी घरांत ॥१९४॥ योग्य वेळार जाली बाळंत । वचन बाबांचें जालें सत्य । आयलें जल्माक पुत्ररत्न । खुशालभरीत रतनजी ॥१९५॥ बरींच वर्सां पडचो दुकळ । मागीर पावसान घालचो धुमाकूळ । तसो शेटजींक खोसयेचो खळखळ । पुत्ररत्न मेळ्ळें म्हणून ॥१९६॥ वंशाचो हो रूख फुल्लो । दिसांमासांनी फांकारत गेलो । धुवां–पुताच्या सुखान न्हालो । उपाट धादोसलो [1]रतनजी ॥१९७॥ मुखारूय वताले दर्शनाक । मेळोवन बाबांच्या आशिर्वादाक । पूर्ण जावन इत्सा एकान एक । धादोसले मनांत रतनजी ॥१९८॥ आंबो जरी चंवरता वसंतांत । सगलींच फळां पिकीं जायनात । बारा भुरग्यां मदलीं चवगां आसात । सुखान नंदतात सध्या ॥१९९॥ सहजगतीन जें जें घडचें । तातुंतूच जाचें मन धादोसचें । अशे रतनजी गोड सभावाचे । जालेनात खंती मात्त पसून ॥२००॥ आतां फुडले कथेचें सार । साईन भरलां स्थिरचर । कोणेंय खंयूय

---

१. रावबहादूर हरी विनायक साठे शिरडीक कशे गेले तें दासगणूंनी आपल्या अर्वाचीन भक्तीलीलामृताच्या एकविसाव्या अध्यायांत सांगिल्लेंच आसा. त्या वेळार म्हाराजांनी तांकां आशिर्वाद दिल्लो - ''तूं लग्न कर, तुका पूत जातलो.'' ते प्रमाण साठेन लग्न केलें. कांय दिसां उपरांत तांची घरकान्न गुरवार जाली. पूण पूत न्हय तर धूव जल्माक आयली. ताका लागून साठे निर्शेले. उपरांत तांची घरकान्न दुसरे खेपे गुरवार जाली. तेन्नाय धुवूच जाली. अर्थांतूच साठे भोव खंती जाले. पूण म्हाराजांचो आशिर्वाद फुकट गेलोना. तिसरे फावटीं मात तांगेर पूत जल्माक आयलो.

बसून स्थीर । अणभव साचार घेवचो ॥२०१॥ ठाणें शाराचो गरीब लाचार । आडनांव जाचें चोळकर । कशे ताच्या भावार्थाचेर । जाले गुरूवर प्रसन्न ॥२०२॥ आदीं केन्नाच ना पळयलें देखलें । त्या साईंक कशे आंगयले । कशें तांकां इत्सीत मेळ्ळें । अणभव दिलो कसो तांकां ॥२०३॥ कित्याक उपकारता भजन प्रेमा बगर । वाचप पोथी अर्था बगर । देव कसो मेळत भावार्था बगर । फकत एक उपचार हो सगलो ॥२०४॥ कुकमा बगर सोबना कपल । अणभवा बगर गिन्यान पोल । न्हय हे पुस्तकी विद्येचे बोल । अणभवान जोखून पळोवचे ॥२०५॥ कित्याक हो साईलीला बेत । खबर ना म्हाका ताचो हेत । साईनूच बरयल्या धरून म्हजो हात । प्रयोजनूय खबर तांकांच ॥२०६॥ ते भायर ग्रंथाक लागता अधिकारी । हांव करतां साईंची चाकरी । तांचीच ही दफ्तरदारी । आज्ञाधारी तांचो ॥२०७॥ श्रोते तानेल्यात चातका भशेन । साई समर्थ स्वानंदघन । शिंवरता अगाध कथाजीवन । तान भागोवचे खातीर ॥२०८॥ जांचे सत्तेन ही जीब । सांगता जांचें हें चरित्र । तांच्या चरणांच्या धुळीत । घालुया लोटांगण हे कुडीचें ॥२०९॥ तोच हे जिबेक उलोवंक लायता । तोच स्वताची कथाय सांगता । ताच्याच पांयांचेर मेळची स्थिरता । चंचल ह्या म्हज्या चित्ताक ॥२१०॥ जशें हें कुडीक आनी वाचेक । तशेंच भजन हें मानसीक । जावचें म्हाका अक्षय सूखदायक । दीन हांव सेवक श्रीसाईंचो ॥२११॥ चरित्र सांगता आनी सांगून घेता । जरी साईच नटला तत्वता । तरी कसो वेगळो तो आनी श्रोता । साई बगर वेगळो न्हय तोय ॥२१२॥ पळोवपाक दिसता चरित्र केवळ । तरी हो सगलो साईंचो खेळ । स्वताच जावन खेळपाक उचांबळ । खेळ हो प्रबळ मांडला ॥२१३॥ चरित्र हें बाबांचें म्हान । भक्तांक अणभव अनेक दाखोवन । करून म्हाका निमताक कारण । तृप्त करतात निजभक्त समुदायाक ॥२१४॥ चरित्र न्हय हें भांडार सुखाचें । परम अमृताचे फळफळावळीचें । भाग्यवान आसत ताणेंच पियेवपाचें । उपाट भक्ती

भावार्थान ॥२१५॥ महिमा अजापीत गुरूकृपेचो । आमकां भक्तांक यादींत उरचो । म्हणुनूच परिश्रम हो ग्रंथाचो । भक्त कल्याणा खातीर केला ॥२१६॥ गायल्यार चरित्र हें आवडीन । उपाट खोसयेन भरतलें मन । भक्तां मदीं कथा पुरवणी अनुवादान । वाडटली भक्ती प्रेमळटाय ॥२१७॥ आयकतकूच रातदीस भावार्थान । तुट्टलें मोह मायेचें बंधन । पयस जातलें [1]त्रिपुटीचें भान । श्रोते सूखसंपन्न जातले ॥२१८॥ धरून श्रीसाईचरण । हेमाड अनन्य भावान शरण । विसरूंक शकना एकूय खीण । चरणांचेरूच लोटांगण अखंड ॥२१९॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । रतनजी–साईसमागमो नांवाचो हो चवदावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

---

१. ज्ञेय, ज्ञाता आनी ज्ञान.